


# म्हजें नांव

# गॅबिटो


लेखक - मोनिका ब्रावन

चित्र - रावल कोलन

कोंकणी अणकार – स्नेहा सबनीस

अणकार सहाय्य –

कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय


गेब्रियेल गार्सिया मार्केझ हांची जिवन काणी

जादूच्या जमखणाचेर बसून

मळबांत उडपाची कल्पना

तुमी करूंक शकता?

एक फावट,

गॅबिटो नांवाचो ल्हान भुरगो

हें करूंक शकतालो.

गेब्रियेल गार्सिया मार्केझ हो घडये त्या तेंपा वयलो सगळ्यांत हुशार लेखक. आपल्या उतरांनी तो संवसार घडयता आनी वाचकांचे जिणेंत दर दिसा घडपी जादूचो आनंद घेवंक तो प्रेरणा दितालो. तांचें व्यक्तीमत्व सामकें खाशेलें, एक कुशळ व्यकती आनी जगभरचे लोक तांची तोखणाय करतात. ही ताणें सांगिल्ली काणी, जिचो आनंद भुरगीं घेवंक शकतात. ताचे कादंबरींतल्या इमेजरीचो वापर करून पुरस्कार प्राप्त लेखिका मोनिका ब्रावन हांणी ताची कोलंबिया ते आतां मेरेनची जीण वाचकां मुखार दवरल्या. प्रेरणा दिवपी जिविताची ही प्रेरणादायक काणी. तातूंत कल्पक आनी सोबीत गजाली अणभवूंक मेळटात.





# म्हजें नांव

# गॅबिटो

## गेब्रियेल गार्सिया मार्केझ

## हांची जिवीत काणी

लेखक - मोनिका ब्रावन

चित्र - रावल कोलन

कोंकणी अणकार – स्नेहा सबनीस


अणकार सहाय्य – कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय




दुर्घटनाग्रस्त नावीक आठ दिसां खातीर फकत हवा आनी समुद्री शैवालांचेर तुमी जगपाची कल्पना करूंक शकतात?

हळडुवे फुलपाखे मोगाच्या गिताचेर आपलीं पांखां फडफडायतात हाची तुमी कल्पना करूंक शकतात?


भांगराचीं आनी रुप्याचीं नुस्तीं हवेंत पेंवतात हाची तुमी कल्पना करूंक शकतात?






तुमी कल्पना करूंक शकतात?

3 0053 00806 1197



एक फावट, गॅबिटो नांवाचो ल्हान भुरगो आशिल्लो जो ही कल्पना करूंक शकतालो. हो भुरगो व्हड जावन विश्वांतलो सर्वश्रेश्ठ कथाकार जालो.

गॅबिटो कोलम्बियाच्या अराकाटाका ह्या जादुई शारांत जल्मल्लो आनी ताची कल्पनाशक्त कोलम्बियांतल्या सगळयांत व्हडल्या, श्रेश्ठ आनी रानवटी दाट जंगल तशेंच उंचेल्या दोंगरा वरीं आशिल्ली.


गॅबिटो खातीर संवसार म्हणल्यार जादूची नगरी आशिल्ली. तो एका व्हड कुटुंबांत ल्हानशा घरांत व्हड जाल्लो आनी, ताचे आजयेच्या म्हणण्या प्रमाणें, एका विचित्र आनी रहस्यमय भुताच्या सांगातान. ही बायल भूत घरांत तरंगता आनी घरांतले कुडींत आराम खुर्चेर धोलता हाची गॅबिटो केन्ना केन्ना कल्पना करतालो.

फाटीं-फुडें, फाटीं-फुडें.

गॅबिटो केन्नाच त्या आराम खुर्चेर बसूंक ना. ताका ते बायल भुताक चिड्डुपाचें नाशिल्लें.

गॅबिटोची कल्पनाशक्त खूब विशाल आशिल्ली.






गॅबिटो, एका 100 वर्सां पिरायेच्या किरा बरोबर रावतालो. ताचें नांव लॉरेंजो द मॅग्निफिसेण्ट. गॅबिटो वरीच लोरेंजो काणयो घडयतालो. आनी कांय वेळार तांच्यो काणयो खऱ्यो जाताल्यो.


एक दीस, गॅबिटोन लोरेंजोक एका व्हडल्या तापट बैलाची काणी सांगतना आयकले. असलोच महाकाय तापट बैल ताचे रांदचेकुडींतल्यान धांवता हाची तुमी कल्पना करात! घडये लोरेंजो द मॅग्निफिसेण्टा कडेन जादूई शक्त आसा अशें गॅबिटोक दिसलें.

गॅबिटोची कल्पनाशक्त आगळी वेगळी आशिल्ली.



पुराय संवसारांत गॅबिटोचे आवडीची व्यक्ती म्हणल्यार ताचो आजो निकोलस. ताचे कडेन अदभूत शब्दांचो एक विशाल शब्दकोश आशिल्लो. जादू फकत चेटकिणी खातीर न्हय तशेंच जिप्सी लोक हे भटके आनी धाडशी वृत्तीचे आसतात, आनी शब्द व्हड, म्हान आनी रानटी आसूंक शकता, हें ह्या शब्दकोशा वरवीं गॅबिटो शिकलो.

गॅबिटो जितले चड शब्द शिकूंक लागलो, तितल्यो चड काणयो तो सांगूंक लागलो.





दर दिसा नाश्त्या उपरांत गॅबिटो आनी ताचो आजो हुबेहूब दिसपी तोपयो घालताले आनी अराकाटाका शारांत पासय मारताले. ते एकामेकांचे हात धरताले आनी चमेलीच्या फुलांचो परमळ घेताले. दोगूय खोशयेन कॅफेंत वताले. थंय ते ताच्या आज्याच्या इश्टांक जेवणा खातीर मेळटाले. ताचो आजो गॅबिटोक थंड उदकाच्या जगांत हात घालून तातूंतल्यान बर्फ भायर काडूंक दितालो.


गॅबिटो जितल्या चड लोकांक मेळ्ळो, तितल्योच चड काणयो तो सांगूंक लागलो.





केन्ना केन्ना, गॅबिटो आनी ताचो आजो शारांचे शिमेर आशिल्ले केळीचे मोटे लागवडी कडल्यान चलत वताले. केळीचे लागवडीचेर लोक कितले कश्ट घेवन केळीं काडटाले तें ताणें पळयलें. खर कश्ट घेवपी लोक इतले गरीब आसात हें ह्या सान गॅबिटोक योग्य दिसलें ना आनी तो दुख्खी जालो. कोणूच गरीब नात आनी सगळे जाण आपआपल्या आज्यां वांगडा झाडांचे सावळेंत तांचो हात धरून बसल्यात आनी बर्फाचे कुडके करतात, हाची कल्पना गॅबिटोन केली.

गॅबिटो जितल्यो चड गजाली पळोवंक लागलो, तितल्योच चड काणयो तो सांगूंक लागलो.





सुर्याच्या तेज किर्णां पोंदा गॅबिटो व्हड जालो. खऱ्यांनीच भुतां आसतात, कीर केन्ना केन्ना सत्य उलयता आनी ह्या जादुई विश्वांत सगळेंच योग्य आसा अशें ना, ह्या सगळ्यांची ताका जाणीव जाली. सगळ्यांत म्हत्वाचें म्हणल्यार, ताका काणयां विशीं प्रेम आसा हें ताका कळ्ळें. ताका काणयो आयकूंक, वाचूंक, सांगूंक आनी बरोवंक खूब आवडटाल्यो. अशक्य शक्य आशिल्लें जग निर्माण करूंक ताका आवडटालें, जंय सपनां खरीं आसलीं आनी जंय लोक उफेवपाक आनी उडपाक शकताले.

गॅबिटो जितल्यो चड काणयो बरोवंक लागलो, तितल्योच चड काणयो ताका बरोवच्यो अशें दिसतालें.









जेन्ना गॅबिटो व्हड जालो तेन्ना ताणें संवसारांतल्यो सगळयांत रोमांचक काणयो बरयल्यो. ताच्यो काणयो जादुई आनी अदभूत आशिल्ल्यो, त्यो म्हज्या आनी तुज्या सारक्यो वास्तवीक आशिल्ल्यो.

गॅबिटोन कसल्यो काणयो सांगल्या आसतल्यो, हाची कल्पना तुमी करूंक शकतात?

दोळे बंद करात आनी पळयात.







तुमी हाची कल्पना करूंक शकतात?


विशाल पांखां आशिल्लो एक मनीस मळबांतल्यान सकयल पडटा, हाची तुमी कल्पना करूंक शकतात?

विश्वांतल्या सगळयांत सोबीत अस्तुरीची कल्पना तुमी करूंक शकतात?

तुमी कल्पना करूंक शकतात?







तुमी कल्पना करूंक शकतात?


जादवाच्या जमखणाचेर बसून मळबांत
उडपाची कल्पना तुमी करूंक शकतात?



ह्यो काणयो जादुई दिसतात कारण त्यो खऱ्यांनीच तश्यो आसात. आनी त्यो गॅबिटो ह्या भुरग्यान बरयल्ल्यो, जो गेब्रियेल ग्रार्सिया मार्केझ म्हूण व्हड जालो. तो एक म्हान कथाकार. ताच्यो काणयो लाखांनी लोक वाचतात आनी सगळयांक त्यो आवडटात. पूण गॅबिटो त्या किराक आनी बैलाक, चमेलीटच्या फुलांक आनी केळींनी काम करपी कर्मचाऱ्यांक, आनी अदभूत शब्द आशिल्ल्या शब्दकोशाक केन्नाच विसरलो ना.

संवसारांतल्या सातूय खंडांनी रावपी लोकांनी ताच्यो काणयो वाचल्यात आनी तांकां त्यो आवडल्यात. संवसार कितलो जादुई, व्हड, म्हान आनी जंगली जावपाक शकता हें ताच्या काणयां वरवीं समजलां.





# गेब्रियेल गार्सिया मार्केझ

गेब्रियेल गार्सिया मार्केझ हांचे कडेन एक कुशळटाय आसा. ते एक कथाकार. 6 मार्च 1928 ह्या दिसा गेब्रियेल, जांकां मोगान सगळें गॅबिटो म्हणटाले, हांचो जल्म उत्तरेंतल्या कोलंबियांतल्या अराकाटाका ह्या शारांत जालो. गॅबिटो हाका ताच्या आजो-आजयेन व्हड केलो. घरांत भाव, भयणी, काका-काकी आनी 100 वर्सांचो कीर 'लॉरेंझो' हीं सगळीं जाणा रावतालीं. गॅबिटोन आपल्या आजो-आजये कडल्यान खूब शिकलो. तींच ताका काणयो सांगतालीं.

गॅबिटो एक पत्रकार आनी कादंबरीकार म्हूण वावुरले. ते युरोपांत, अमेरिकेंत, मॅक्सिकोंत आनी हेर कांय सुवातींनी रावले. 1958 वर्सा, ते तांच्या ल्हानपणांतली मोगिका मर्सिडीज पार्डो हांचे कडेन लग्न जाले. तांकां रॉड्रिगो आनी गोंजालो, हे दोग पूत आसले.

गॅबिटो हांची सुरवातेची जीण, केळयाच्या मळांत काम करपी गरीब कामगारांक पळोवन गेली. कामगारांच्या न्याय्य लढ्याचेर तांचो विश्वास आसलो. गॅबिटो संवसारांतले नामनेचे लेखक जाले तेन्ना लेगीत ते त्या कामगारांक विसरले नात आनी तांच्यो काणयो तांच्या कादंबरींनी आनी जिणेंत दिसल्यो.

गेब्रिएल गार्सिया मार्केझ हांणी तीस पुस्तकां बरयल्यांत. तातूंत "लव इन द टायम ऑफ कॉलेरा" (1988), "लिविंग टू टॅल द टेल" (2003), आनी तांची सगळयांत गाजिल्ली कादंबरी "वन हंड्रेड इयर्स ऑफ सॉलिट्यूड" (1967) हांचो आसपाव आसा. 1982 वर्सा, तांकां साहित्या खातीर नोबेल पुरस्कार भेटोवन सन्मानीत केलो. संवसारभरचे लोक तांच्यो काणयो वाचतात. चडशे फावट तांणी कोलंबिया विशीं बरयलां. थंयच्या लोकांच्यो आनी सुवातींच्यो काणयो ते सांगतात. ते मॅक्सिको शारांत रावताले.